Panaji regional news

16 dec 2025,,7.20pm

160

बर्च बाय रोमिओ लेन क्लबाक लागिल्ल्या उजो प्रकरणाची गोंयातल्या मुंबय उच्च न्यायालयान स्वेच्छा याचिका दाखल करून दखल घेतल्या. हे याचिकेत उच्च न्यायालयाक आवश्यक ती म्हायती दिवपा खातीर ॲड. रोहित ब्राझ डिसा हांची ॲमिकस क्युरी म्हूण नेमणूक केल्या. हे याचिकेचेर 8 जानेवारी 2026 दिसा फुडली सुनावणी जातली. वेवसायिक बांदकामा आनी ती मोडपाचेर दिल्या स्थगितीचो विशय आता उच्च न्यायालयात पावला. बर्च बाय रोमिओ लेन क्लबच्या जमिनीसंबंदी प्रदीप घाडी आमोणकार हांणी उच्च न्यायालयात याचिका घाली. हे याचिकेचेर सुनावणीवेळार व्यावसायिक बांदकामांक दिल्ले स्थगितीचेर लेगीत चर्चा जाली.

बर्च बाय रोमिओ लेन क्लबाक शनवारा 6 डिसेंबराक उजो लागून 25 जाणाक मरण आयलें. हे दुर्घटनेची दंडाधिकाऱ्यामार्फत चवकशी सुरू आसा. दंडाधिकाऱ्यानी जमिनीच्या कागदपत्रां संबंदी प्रदीप घाडी आमोणकार, सुनील दिवकार या दोगांची चवकशी केल्या. चवकशी सुरू आसताना प्रदीप घाडी आमोणकार हांणी गोंयातल्या मुंबय उच्च न्यायालयात चवकशेची मागणी करपी याचिका घाली. हे याचिकेचेर  न्यायमुर्ती सारंग कोटवाल आनी न्यायमुर्ती आशिश चव्हाण हांचे खंडपीठामुखार सुनावणी जाली. राज्यात वेवसायिक बांदकामांचो विशय सुनावणीवेळार  चर्चेक आयलो आनी उच्च न्यायालयान स्वेच्छा याचिका दाखल करून घेतली.

लुथरा दिल्ली   80

बर्च बाय रोमिओ लेन क्लबाचे धनी सौरभ आनी गौरव लुथरा हांका दिल्लीत गोंय पुलीसांनी ताब्यात घेतलां. बेगीनूच पुलीस दोगांकूय गोंयांत हाडटले. आयज

सकाळी इंटरपोल पुलीसांनी बँकाक सावन तांका विमानातल्यान दिल्ली हाडले. तांका ताब्यात घेवपा खातीर गोंय पुलीसांचो पंगड दिल्ली गेल्लो.बर्च बाय रोमिओ लेन क्लबाक 6 सप्टेंबराच्या रातीक उजो हे दुर्घटणे उपरांत ते फातोडेर थायलंडाक पळोन गेल्ले. बर्च बाय रोमिओ लेन क्लबाक लागिल्या उज्याचो तपास हणजूण पुलीस करतात. तशेच सरकारान चवकशे खातीर दंडाधिकाऱ्यांच्या फुडारपणा खाला चवकशी समिती स्थापन केल्या.

## मडगाव-मंगळूरू रेल्वे मार्गाचे दुपदरीकरणाचे काम हातात घेतले : संतोष कुमार झा

160

मडगाव: प्रवासी आनी मालाची येरादारी वाडत आशिल्ल्यान रेल्वे मार्गाचे दुपदरीकरण करप गरजेचें आसा. सध्या कोंकण रेल्वेचो एकूच ट्रॅक आसा. कोंकण रेल्वे मार्गाचे दुपदरीकरण करपाचे काम म्हामंडळ हातात घेवपाचे आसा अशी म्हायती कोंकण रेल्वे म्हामंडळाचे अध्यक्ष आनी वेवस्थापकीय संचालक संतोष कुमार झा हांणी आयज मडगांवां जाल्ले पत्रकार परिशदेंत दिली.ह्या कामाचो पयलो भाग म्हूण मडगाव ते मंगळूरू मेरेनच्या 318 किमी. तें पळोवन सर्वेक्षण सुरू केलां आनी ताचे उपरांत खर्चाचो अदमास तयार करतले, उपरांत हो प्रस्ताव केंद्र सरकाराक धाडटले आनी मान्यताय मेळ्ळया उपरांत प्रत्यक्ष काम सुरू करतले अशें तांणी सांगलें.जो मेरेन पर्यावरणाक आनी लोकांच्या जिणेच्या दर्ज्याक धोको ना तो मेरेन कोणेंच रेल्वेमार्ग दुपदरीकरणाक  विरोध करचो न्हय. हे काम देशाचे उदरगतीखातीर जाता ते खातीर अशा वावराक येवकार दिवंक जाय. पूण आतां कोंकण रेल्वेक लागून जायतीं राज्यां आनी शारां एकामेकांक जोडिल्लीं आसात अशें झा हांणी फुडें सांगलें. सरजोरा, नेवरा आनी माये हांगा रेल्वे स्टेशनां बांदपाचो प्रस्ताव ना. प्रवाशां खातीर वा माल भरपा खातीर ह्या स्टेशनानी गाडी थांबची ना. हीं स्टेशनां फकत रेल्वे क्रॉसिंगां खातीर वापरतले. हांगा कोळसो हाताळणी मातूय जाव

१२ जानेवारी ते १६ जानेवारी मेरेन जातलें अधिवेशन 100

गोंय विधानसभेचे अधिवेशन १२ जानेवारी २०२६ ते १६ जानेवारी २०२६ अशे पांच दीस जातले.

राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी अधिवेशनाचें समन्स जारी केला. पयल्याच दिसा १२ तारखेर राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांचें अभिभाशण जातलें. गोंय विधानसभेंत अभिभाशण करपाची राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांची ही पयलीच वेळ आसतली. अधिवेशनात शुक्रार, १६ जानेवारी हो खासगी कामकाजाचो दीस आसतलो.  बर्च बाय रोमिओ लेन दुर्घटनेविशी अधिवेशनांतूय  वादळी चर्चा अपेक्षीत आसा.आमदारांक २६ डिसेंबर २०२५ मेरेन प्रस्न सादर करचे पडटले. शुन्य प्रहर आनी लक्षवेधी सुचवणे खातीर त्याच दिसा सकाळीं १० वरां मेरेन ऑनलायन स्वरूपांत नोटीस दिवची पडटली. सविस्तर कार्यावळ कामकाज सल्लागार समितीचे बसकेंत थारतली.

फाटल्या २८ वर्सांत कोंकण रेल्वेकडल्यान मोठ्या प्रमाणात उदरगतीची कामां : संतोष कुमार झा 200

मडगाव: फाटल्या २८ वर्सांत कोंकण रेल्वे म्हामंडळाकडल्यान मोठ्या प्रमाणार उदरगतीची कामां जाल्यात आनी फाटल्या तीन वर्सांत कोंकण रेल्वे म्हामंडळ फायद्यात चालू आसा अशी म्हायती कोंकण रेल्वेचे अध्यक्ष आनी वेवस्थापकीय संचालक संतोष कुमार झा हांणी आयज दिली. कोंकण रेल्वेन रा ेहा (महाराष्ट्र) ते ठोकुर (कर्नाटक) हांचेमदीं 739 कि.मी. मार्गाचेर ७२ स्टेशनां उबारल्यात. हे मजगती व्हड-ल्हान १०० पूल, ९१ बोगदे आनी ८७ लीव्हर क्रॉसिंग गेट आसात. कोंकण रेल्वेन फाटल्या 28 वर्सांत व्हड प्रगती केल्या अशी म्हायती तांणी दिली.2022 वर्सा सावन कोंकण रेल्वे मार्गाचेर 1300 कोटी रुपया खर्च करून

वीजेकरण जाल्ल्यान कोंकण रेल्वे म्हामंडळा खातीर दर वर्सा इंधनाचेर 200 कोटी रुपया फायदो जाता अशी म्हायती तांणी दिली. सध्या कोंकण रेल्वे म्हामंडळ फकत प्रवासी आनी मालवाहतूक येरादारी करीना पूण मुळाव्या साधनसुविधां स्थापन करपाचेरूय काम करीत आसा. सध्या म्हामंडळाचे 15 हजार कोटी रुपयाचे प्रकल्प चालू आसात अशें तांणी सांगलें. कोंकण रेल्वे म्हामंडळाचो फायदो दर वर्सा वाडत आसा. म्हामंडळाक 2022-23 वर्सा 278.93 कोटी, 2023-24 वर्सा 301.74 कोटी आनी 2024-25 वर्सा 437.69 कोटी रुपया फायदो जाल्ल्याची म्हायती तांणी दिली.कोंकण रेल्वे म्हामंडळान फाटल्या तीन वर्सांत गोंयांतल्या रेल्वे स्टेशनां उदरगती खातीर 35 कोटी रुपया खर्च केल्यात. हातूंत रेल्वे स्टेशनां, सोयीस्कर विश्रांती घरां, रेल्वे आर्केड, बायलां खातीर गुलाबी बबल जागो, पार्किंग वाठार सोबीत करप आनी हेर जायते काम हांचो आस्पाव जाता. फुडल्या तीन वर्सांत 11.60 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या आनी तातूंत प्लॅटफॉर्म शेल्टर, लिफ्ट, बायो टॉयलेट, येरादारी सेवा वाडोवप सारकिले काम आसपावीत आसात अशी म्हायती तांणी दिली. मडगांव रेल्वे स्टेशन अमृत भारता खाला विकसीत करतले. मडगाव स्टेशनाचेर आनी उपरांत हेर स्टेशनां वयल्यान प्रधानमंत्री जन औषधी फार्मसी सुरू जातली. प्रवासांत प्रवाशांक वैजकी सुविधा दिवपाची वेवस्था जातली अशेंय तांणी सांगलें. कोंकण रेल्वे म्हामंडळ प्रवाशांची सुरक्षीतताय आनी तांचो सोयीचो प्रवास तशेंच नितळसाणे खातीर कटिबद्ध आसा. आरपीएफ आनी सीसीटीव्ही कॅमेऱ्यांचो उपेग करून चोरांक धरप, चोरिल्लो म्हाल वसूल करप आनी पळून गेल्ल्या भुरग्यांक सुरक्षीतपणान पालकांक परतून दिवपाचें काम सुरू आसा. फाटल्या वर्सा रेल्वे प्रवासांत चोरयेचो आंकडो उणो जाला अशें तांणी स्पश्ट केलें. पावसाळ्या पयलीं रेल्वे मार्गाची तपासणी करून उपाय करतात अशेंय तांणी सांगलें. मालवाहतूक आनीक वाडोवपा खातीर वेर्णा आनी बल्ली ह्या दोन सुवातींनी सुविधा वाडयतले अशें तांणी सांगलें. कोंकण रेल्वे म्हामंडळान गुणवत्ता, सुरक्षीतताय, पर्यावरण वेवस्थापन, म्हायती तंत्रज्ञान सुरक्षा आनी हेर मळार जायतीं आयएसओ प्रमाणपत्रां मेळयल्यांत अशेंतांणी निमाणे सांगलें. हे पत्रकार परिशदेंत मुखेल

जनसंपर्क अधिकारी सुनील बी नरकार, विभागीय रेल्वे वेवस्थापक आशा शेट्टी, उप विभाग वेवस्थापक बबन घाटगे हाजीर आशिल्ले.

००

130 देशभक्तीपर सर्तींनी

संरक्षण मंत्रालयान आयोजित केल्ल्या वेगवेगळ्या देशभक्तीपर सर्तींनी वांटेकार जायात अशें गोवा शिक्षण प्रशिक्षण मंडळान मांगलां. विद्यार्थ्यांमदी देशभक्ती आनी राष्ट्रप्रेम वाडीक लागचे हो हेत दवरन ह्यो ऑनलायन सर्ती माय गॉव्ह पोर्टलाचेर उपलब्ध केल्यात. ह्या सर्तींनी राज्यातल्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांनी वांटेकार जावंचे खातीर शाळा मुखेल्यांनी येत्न करचें अशें जी. एस. सी. ई. आर. टी. न मांगला. ह्या सर्तींनी - स्वतंत्रता का मंत्र- वंदे मातरम - ह्या विशयाचेर निबंद सर्त ; समृद्धी का मंत्र- आत्मनिर्भर भारत ह्या विशयाचेर चित्रकला सर्त ; प्रश्नमंजुषा सर्त - वंदे मातरम गीताक देडशें वर्सां , भारतीय अवकाश संशोधन उपलब्धी , भारतीयांचे खेळांतले यश अशा सर्तींचो आसपाव आसा. ह्या सर्तींनी जैतिवंत जाल्ल्या विद्यार्थ्यांक २६ जानेवारी दिसा नवी दिल्लींत जावपी संचलनात वाटो घेवंक मेळटलो अशें ह्या विशींच्या खबरेंत म्हळां. सगळ्या सर्ती माय गॉव्ह पोर्टलाचेर ३१ डिसेंबर मेरेन चालू उरतल्यो.

सायकल दादल्यांच्या चॅम्पियनशिप 100

नवेलीम-गोंयच्या गोंय विद्यापिठाच्या आदारान रोझरी कॉलेज ऑफ कॉमर्स अँड आर्ट्स, नावेलीम हे संस्थेन आयोजीत केल्ल्या गोंय विद्यापिठाच्या इंटर कॉलेजिएट सायकल दादल्यांच्या चॅम्पियनशिप 2025-26 वर्सा सेंट जोसेफ वाज कॉलेज, कोर्टलीम हांणी जैत मेळयलें. रोझरी कॉलेज ऑफ कॉमर्स अँड आर्ट्स, नावेलीमाक उपविजेतो सुवात मेळ्ळी आनी तिसरें स्थान संत सोहिरोबानाथ अंबये गव्हर्नमेंट कॉलेज ऑफ आर्ट्स अँड कॉमर्स, पेर्नेम हांणी जिखलें. गोंयच्या

वेगवेगळ्या म्हाविद्यालयांतल्या सुमार 50 सहभागींनी 35 किलोमीटर अंतराच्या सायकल सर्तींत वांटो घेतलो.